12th Sept 2025 सकाळी - 8.40

आकाशवाणी पणजी

मुखेल खबरो

- सी.पी. राधाकृष्णन आयज सकाळी नवी दिल्लीत भारताचे, 15वे उपराष्ट्रपती म्हूण सोपूत घेतले.
- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज सांजे नवी दिल्लींत जावपी, ज्ञान भारतम आंतरराष्ट्रीय परिशदेंत वांटो घेतले.
- भारताची दर्यावेली सुरक्षा वाडोवपा खातीर, आयज INS अरावलीक, भारतीय नौदळात आस्पवित करतले.
- नवी दिल्लींत अमेरिकेचे नियुक्त- राजदूत सर्जियो गोर हांणी सांगलां की, भारत आनी अमेरिकेचे संबंद संवसारात, खासा महत्वाचे आसात.
- आशिया कप क्रिकेटांत, बांगलादेशान हांग्कांगाक 7 विकेटींनी हारयलो.

VP Swearing in – 60

सी. पी. राधाकृष्णन आयज भारताचे 15वे उपराष्ट्रपती म्हूण सोपूत घेतले. राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू राधाकृष्णन हांका राष्ट्रपती भवनांत पदाचो सोपूत दितल्यो. ह्या म्हयन्याचे णव तारखेक जाल्ले उपराष्ट्रपतीचे वेंचणुकेंत ते जैतिवंत जाले. एनडीएचो उमेदवार राधाकृष्णन हाणें 452 मतां मेळयलीं आनी I.N.D.I.A. युतीचो उमेदवार आनी आदले सर्वोच्च न्यायालयाचे न्यायाधीश बी.सुदर्शन रेड्डी हांचो १५२ मतांनी पराभव केलो.

PM Gyan Bharatam - 100

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज सांजवेळा नवी दिल्लींत जावपी ज्ञान भारत आंतरराष्ट्रीय परिशदेंत वांटो घेतले. तशेंच हातबरपां डिजिटलीकरण, संवर्धन आनी भौशीक प्रवेशाक गती दिवपा खातीर समर्पीत डिजिटल प्लॅटफॉर्म ज्ञान भारत पोर्टल सुरू करतले. प्रधानमंत्रीय ह्या निमतान मेळाव्याक संबोधित करतले. "हस्तलिखित दायजा वरवीं भारताचें गिन्यान दायज परत मेळोवप" ह्या विशयाचेर काल तीन दिसांच्या परिशदेची सुरवात जाली. हे परिशदेंत मुखेल विद्‌वान, संवर्धनवादी, तंत्रज्ञ आनी धोरण तज्ञ एकठांय करून भारताची खाशेली हातबरपाची संपत्ती परतून जिवीत करपाचे उपाय विचारांत घेतल्यात. तशेंच तातूंत दुर्मिळ प्रदर्शन आनी संवर्धन, डिजिटलीकरण तंत्र आनी पुर्विल्ल्या लिपींचें व्याख्यान अशा म्हत्वाच्या क्षेत्रांचेर अभ्यासकांनी सादरीकरणांचो आस्पाव जाता.

रामगुलाम - 130

मॉरिशयसचे प्रधानमंत्री नवीनचंद्र राम-गुलाम वाराणसीच्या आध्यात्मिक शारात पावले आणि उत्तरप्रदेशची राज्यपाल आनंदीबेन पटेल हाणी, तांका येवकार दिलो आणि तांका 'गार्ड ऑफ ऑनर' दिलो. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी मॉरिशसचे प्रधानमंत्री, नवीनचंद्र रामगुलाम हांचेकडेन द्‌विपक्षीय चर्चा केली. उपरांत संयुक्त पत्रकार परिषदेत, प्रधानमंत्री मोदींन दोनूय देशांतल्या वाढत्या संबंधांची पुष्टी केली आणि म्हणले की, “भारत आणि मॉरिशस ही दोन राष्ट्र आसात, पुण आमची स्वपना एक आसात".

(Byte -  PM Mauritius Welcome)

प्रधानमंत्री मोदी हाणी म्हणले, की भारत आणि मॉरिशस हे फक्त भागीदार ना, तर एक कुटुंब आसात. दोन्ही देशा मजगती विज्ञान आणि तंत्रज्ञान, समुद्रशास्त्र, प्रशासकीय प्रशिक्षण आणि टेलिमेट्री या क्षेत्रातल्या, चार समजीकायेच्या कबलातींची देवाण घेवाण जाली. वीज क्षेत्रात, लघु विकास प्रकल्पां खातीर भारताचे अनुदान सहाय्य आणि जलविज्ञान यासारख्या, आनीक तीन कागदपत्रांची देवाणघेवाण जाली.

(Byte – PM Modi Mauritius Destiny)

अरावली - 50

भारताची दर्यावेली सुरक्षा वाडोवपा खातीर, आयज गुरुग्रामांत, INS अरावलीक भारतीय नौदळात आस्पवित करतले. अरावली दोंगर माळेच्या नांवार, INS अरावली हें नांव दवरला आनी नौदळाची म्हायती आनी संचारण बांदावळ घटमूट करपा खातीर तयार केल्या, अशें संरक्षण मंत्रालयान निवेदनांत म्हणलां. ह्या सुवाळ्याचे अध्यक्षपद, नौदलाचे मुखेली एडमिरल दिनेश के त्रिपाठी सामाळतले.

सर्जियो गोर - 80

नवी दिल्लींत अमेरिकेचे नियुक्त- राजदूत सर्जियो गोर हांणी सांगलां की, भारत आनी अमेरिकेचे संबंद संवसारात, खासा महत्वाचे आसात. आपल्या पुष्टीकरण सुनावणे खातीर, सिनेट मुखार हाजीर आसतना गोर हांणी, भारत हो एक रणनिति भागीदार आशिल्ल्याचे म्हळें. भारता वांगडा संरक्षण आनी सुरक्षा सहकार, खोलायेन वाडोपाक प्राधान्य दितले, अशे तांणी म्हळें. हातूंत संयुक्त लश्करी कवायतींचो विस्तार,

संरक्षण प्रणालींचो सह-विकास मुखार व्हरप, हांचो आस्पाव जाता. अमेरिकेन फुडल्या सप्तकांत वॉशिंग्टनाक भेट दिवपाक, भारतीय प्रतिनिधी मंडळाक आपयलां आनी दोनूय वटांनी कबलात जावपाची शक्यताय आसा, अशेंय गोर हांणी सांगलें.

गोयल – 50

केंद्रीय वाणिज्य आणि उद्योग मंत्री पियुष गोयल हाणी  म्हणला, की सरकार द्विपक्षीय व्यापार कबलातीक अंतिम स्वरूप दिवपाक, अमेरिकेकडे सक्रियपणान संपर्क साधता. अमेरिकेचे राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प आणि प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी व्यापार चर्चेबद्दल आणि द्विपक्षीय संबंधांतल्या वाढत्या सुलभतेविशी, सकारात्मक अपडेट्स सांगल्या उपरांत, गोयल हांचे हे वक्तव्य आसा.

(Byte – Piyush Goel )

# BREAK

अमित शहा - 60

केंद्रीय गृहमंत्री अमित शहा हाणी काल लखनऊ, तिरुवनंतपुरम, त्रिची, कालिकत आणि अमृतसर विमानतळांचेर, व्हिडिओ कॉन्फरन्सिंगावरवी फास्ट ट्रॅक Immigration Trusted Traveller हे कार्यावळीचे उक्तावण केले. या कार्यावळीचे उद्दिष्ट जलद, सुलभ आणि सुरक्षित इमिग्रेशन क्लिअरन्सा सयत, आंतरराष्ट्रीय गतिशीलता सुलभ करप आसा. हाका

लागुन हेर देशांतल्यान येवपी भारतीय नागरिक आणि ओव्हरसीज सिटिझन्स ऑफ इंडिया प्रवाशांक, अधिक सुविधा मेळतल्यो.

(Byte - Amit Shah Fast Track)

EC Workshop – 70

वेंचणूक आयोग आयज सगल्या राज्यांच्या आनी केंद्र शासित प्रदेशांच्या मुखेल वेंचणूक अधिकारी कार्यालयांतल्या माध्यम आनी संचारण अधिकाऱ्यां खातीर एक दीस कार्यशाळा घडोवन हाडटलो. देशांतली वेंचणूक संविधाना प्रमाण जाता आनी कायदेशीर, तथ्यात्मक आनी नेमाचेर आदारिल्ली म्हायती वेळार आनी समन्वयान पावोवपाचें म्हत्व उक्तें करपाचो हे कार्यशाळेचो हेत आसा. मुख्य वेंचणूक आयुक्त ज्ञानेश कुमार वेंचणूक आयुक्त डॉ सुखबीर सिंग संधू आनी डॉ विवेक जोशी हांच्या हाजिरेंत कार्यशाळेचें उक्तावण करतले.

वैष्णव - 70

केंद्रीय रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव हाणी म्हायती दिली की, रेल्वे शेनवार सावन, काश्मीर देंगणातल्या बडगाम ते दिल्लीतल्या आदर्श नगर स्थानका मेरेन, सदाच्या वेळापत्रकाप्रमाण पार्सल ट्रेन सुरू करता. जम्मू-श्रीनगर मार्गार आता काश्मीर देंगणात, बरी जोडणी आसा. बडगाम ते दिल्ली हांगा, सफर-चंद व्हरपी दोन पार्सल व्हॅनची लोडिंग, सुरू जाता. तशेच बिहार आनी कलकोता हांका जोडपी, रेलवे विशी लेगीत, मंत्री अश्विनी वैष्णव उलयलें.

(Byte – Vaishnaw Bhagalpur )

Asia Cup - 100

काल आशिया कप क्रिकेटांत बांगलादेशान हांग्कांगाक 7 विकेटींनी हारयलो. युएईच्या शेख जायद क्रिकेट स्टेडियमाचेर 144 धांवड्यो जिखपाचो लक्ष्यचे फाटलाव करपी बांगलादेशान 14 बॉल उरिल्ले आसतना सहजतायेन मॅच जिखली. टी-20 मॅचींनी बांगलादेशान हांग्कांगाचेर केल्लो हो पयलो जैत. प्लेयर ऑफ द मैच म्हणून लिटन दास हाची निवड जाली.

हवामान - 60

भारतीय हवामान खात्यान आयज मराठवाडा, नागालँड, मणिपूर, मिजोरम आनी त्रिपुरात घोग्यांनी पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. हवामान खात्यान आंध्रप्रदेश, अरुणाचल प्रदेश, आसाम, मेघालय, बिहार, छत्तीसगढ़, आनी मध्य महाराष्ट्रात लेगीत व्हडा प्रमाणांत पावस पडपाची शक्यताय उक्तायल्या.

आता खबरो सोपोवच्या आदी, परतून एक फावट आयच्यो मुखेल खबरो

- सी.पी. राधाकृष्णन आयज सकाळी नवी दिल्लीत भारताचे, 15वे उपराष्ट्रपती म्हूण सोपूत घेतले.

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज सांजे नवी दिल्लींत जावपी, ज्ञान भारतम आंतरराष्ट्रीय परिशदेंत वांटो घेतले.

- भारताची दर्यावेली सुरक्षा वाडोवपा खातीर, आयज INS अरावलीक, भारतीय नौदळात आस्पवित करतले.

- नवी दिल्लींत अमेरिकेचे नियुक्त- राजदूत सर्जियो गोर हांणी सांगलां की, भारत आनी अमेरिकेचे संबंद संवसारात, खासा महत्वाचे आसात.

- आशिया कप क्रिकेटांत, बांगलादेशान हांग्कांगाक 7 विकेटींनी हारयलो.

इतल्यान ह्यो राष्ट्रीय खबरो सोपल्यो, आकाशवाणी पणजीच्या खबर विभागाचे, मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकूंक मेळटलें, आयज सांजे साडे स वरांचेर.  नमस्कार